**प्रजासत्ताक संचलनाक हजर रावपाक आदिवासी सदस्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात**

ता. 17 ऑक्टोबर 2023

केंद्रीय आदिवासी वेव्हांर मंत्रालयान नवी दिल्लीत 2024 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलन सुवाळ्याक हजर रावपा खातीर गोंय राज्यातल्या खास करून बीपीएल वर्गातल्या दोगा अनुसूचीत जमातीतल्या प्रतिनिधीक (एक दादलो आनी एक बायल) आमंत्रीत केला.

नवी दिल्लीत 2024 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलन सुवाळ्याक हजर रावपाक इत्सुक आशिल्ल्या गोंय राज्यांतल्या पात्र आनी जांची पिराय साठ वर्सां वयर ना अशां व्यक्तिंनी आपले नामांकन विहित नमुन्यात संचालक, आदिवासी कल्याण संचालनालय, श्रमशक्ती भवन, 5वो माळो, पाटो-पणजी हांगा 26 ऑक्टोबर 2023 मेरेन सुपूर्द करचे. विहित नमुन्यातलो अर्ज आदिवासी कल्याण संचालनालयात उपलब्ध आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/810

--

---------------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.